Panaji national 11.8.25 at 6.30pm

Pm 60

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आज नवी दिल्लीत बाबा खरक सिंग मार्गार संसद सदस्यां खातीर १८४ नव्यान बांधील्या टाईप-सेव्हन बहुमजली सदनिकांचे उक्तावण केले. या वेळार उलयताना मोदी हाणी म्हणले, की २१ व्या शतकातलो भारत विकासाखातीर उत्सुक आसा कारण तो त्याच्या जबाबदाऱ्यांबद्दल संवेदनशील आसा. मोदींनी अधोरेखित केले की या बहुमजली इमारतीत १८० परसचड संसद सदस्य एक ठाय रावपाक शकतले आणि या नवीन निवासस्थानांचो एक महत्त्वाचो आर्थिक पैलू लेगीत आसा

Parliament

वेगवेगळ्या मुद्द्यां वेल्यान विरोधी पक्षांच्या गोंधळाक लागुन संसदेचे दोनुय सभागृह दनपार २:०० sthagit मेरेन केले. राज्यसभेचे कामकाज सकाळी ११ क सुरू जाले तेन्ना उपसभापती हरिवंश हाणी शून्य वर सुरू करपाचो प्रयत्न केलो. विरोधी सदस्यांनी बिहारातल्या मतदार वळेरीच्या विशेष सघन सुधारणा आणि हेर बाबींचो मुददो उपस्थित केलो. त्यांनी सांगले की त्यांका पाच वेगवेगळ्या मुद्द्यांर वेगवेगळ्या राजकीय पक्षांकडच्यान २९ तहकूब सूचना मेळल्यात, त्यापैकी १८ न्यायालयीन प्रकरणांकडे संबंधित आसात. त्यांनी परतपरत निषेध करपी सदस्यांक आपापल्या सुवातांचेर  परत वचपाचे आणि सभागृहाचे कामकाज सुरू दवरपाचे आवाहन केले. राज्यसभेत सतत व्यत्यय येत रावल्यान ६२ वरापरस चड वेळ वाया गेला अशेय हरिवंश हांणी म्हणले. आनी प्रश्नोत्तर आणि शून्य वर सदस्यां खातीर आसात अशे सांगुन आणि त्यांनी निषेध करपी सदस्यांक सभागृहाचे कामकाजात आडमेळी हाडची न्हय अशे आवाहन केले. गोंधळ सुरू उरिल्यान उपसभापतींनी सभागृह दनपार २ मेरेन तहकूब केले.

Loksabha birla

लोकसभेतय अशेच दृश्य पळोवंक मेळले. सकाळी ११क सभागृह सुरू जाले तेन्ना विरोधी पक्षांनी विशेष सघन सुधारणांच्या मुद्यार चर्चा जावची अशी मागणी करत निदर्शना सुरू

केली. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी म्हणले की, निदर्शक सदस्य पूर्वनियोजित पद्धतीन सभागृहात आडमेळी हाडतात जे लोकशाही खातीर योग्य ना. परूपरत आवाहन करूनय विरोधी सदस्यांनी तांचो निषेध सुरू दवरले उपरांत, सभापतींनी सभागृह दुपारी २ मेरेन तहकूब केले..

Goa bill 45

गोंय विधानसभा मतदारसंघांत अनुसूचीत जमातींच्या प्रतिनिधीत्व पुनर्वसन येवजण विधेयक, २०२४' विधेयक आयज राज्यसभेत संमत केलें. आतां हें विधेयक राष्ट्रपतीchya संमती खातीर धाडटले. फाटल्या सप्तकांत लोकसभेन हें विधेयक संमत केल्लें.
लोकसभेच्या मंजुरी उपरांत राज्यसभेची मंजुरी मेळतकच गोंयांत अनुसूचीत जमातीं खातीर विधानसभा वेंचणुकेंत आरक्षीत जागा निश्चीत करपाक मेळटले.

Imd 75

भारतीय हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तराखंडतर घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . तशेंच अंडमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार आनी उदेंत मध्य प्रदेशातुय घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हरियाणा, चंडीगढ, कर्नाटक, केरळ, माहे, पंजाब, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगना आनी उत्तर प्रदेशांतुय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत, बाल्टीस्तान, मुजफ्फरबाद, झारखंड आनी बिहारात वादळी वारें आनी गडगड आणि वीज पडपाची शक्यताय आसा अशे IMDन कळीत केला

Sports 30

काल ओडिशातल्या भुवनेश्वर हांगच्या कलिंगा स्टेडियमार जाल्या इंडियन ओपन २०२५ वर्ल्ड एथलेटिक्स ब्रॉन्झ लेव्हल कॉन्टिनेंटल सर्तीत ॲथलेटिक्सात ऑलिंपियन अन्नू राणीन बायला भालाफेक स्पर्धेत विजेतेपद पटका .यले. दादल्यांच्या भालाफेकीत भारताच्या शिवम लोहकरेन रुपया पदक पटकायले.